**<u>माडेल थिवी हांगा सवाय धान्य दुकान चलोवपाखातीर अर्ज</u>**

ता. १ सप्टेंबर 2020

बार्देस तालुक्यातल्या माडेल थिवी हांगा सवाय धान्य दुकान चलोवपाखातीर सुशिक्षीत बेरोजगारांची सहकारी संस्था, नोंदणीकृत सहकारी संस्था, अनुसूचीत जाती-जमातीतले सुशिक्षीत बेरोजगार, स्वातंत्र सैनिक, शारीरिक अपंगुळ आनी आवश्यक जागो, भांडवल आनी सवाय धान्य दुकान चलोवपाचो अणभव आशिल्ल्या इत्सुक व्यक्तींकडल्यान अर्ज मागयल्या.

सुशिक्षीत बेरोजगारांची सहकारी संस्था आसल्यार चडशें सुशिक्षीत बेरोजगार मान्यताप्राप्त शाळेतल्यान शालांत परीक्षा उत्तीर्ण आसपाक जाय आनी रोजगार विनिमय खात्याकडेन नोंदणी जाल्ली आसपाक जाय. तशेंच उमेदवाराच्या कुटुंबातली खंयचीय व्यक्ती राज्यांत सवाय धान्य दुकान चलोवपी आसपाक जायना.

उमेदवारांचे अर्ज ता. 22 सप्टेंबर 2020 मेरेन बार्देस तालुक्याच्या मामलेदार कचेरीत पावपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/450

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA